# गोंय विद्यापीठान ज्युनियर रिसर्च वांगडी पदांखातीर अर्ज मागयल्यात

ता. 5 फेब्रुवारी 2025

गोंय विद्यापीठान भारत सरकारच्या विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्रालयाच्या जीवशास्त्र विभागा खाला पुरस्कृत "Microplastics in ballast water as an emerging vector for bacterial pathogens and Harmful Algal Bloom species: a potential risk to the marine environment and human health" ह्या विशया वयल्या संशोधन प्रकल्पाचेर काम करपाक एका ज्युनियर रिसर्च वांगड्याची तीन वर्सां काळाखातीर तातपुरत्या/कंत्राटी तत्वाचेर नेमणूक करपा खातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. हो प्रकल्प तीन वर्सां खातीर आसून निवड जाल्ल्या उमेदवाराक गोंय विद्यापीठात सुक्ष्मजीवशास्त्र, जीवशास्त्र आनी जीवशास्त्र तंत्रज्ञान विशयाचेर संशोधन करचे पडटले.

ज्युनियर रिसर्च वांगडी पदाखातीर उमेदवारा कडेन सुक्ष्मजीवशास्त्र/सागरी विज्ञान/जीवशास्त्र तंत्रज्ञान/बायोकॅमिस्ट्री/जीवशास्त्र विशयात पयल्या वर्गात एम.एससी. पदवी, व्याख्याता सयत CSIR-UGC NET अशी राष्ट्रीय पात्रता परिक्षा वा जीवशास्त्रात as DST, DBT, MHRD, ICAR, ICMR, राष्ट्रीय पांवड्यावयली तत्सम परिक्षेची पात्रताय आसपाक जाय. म्हयन्याक 37,000/- रूपया मानधन आनी 27 टक्के घर भाडे भत्तो दितले.

इत्सुक आनी पात्र उमेदवारांनी मुलाखती खातीर 19 फेब्रुवारी 2025 दिसा सकाळी 10.30 वरांचेर सुक्ष्मजीवशास्त्र, जीवशास्त्र आनी जीवशास्त्र तंत्रज्ञान विभाग, गोंय विद्यापीठ हांगा सीव्ही आनी प्रमाणपत्रां आनी दाखल्यां सयत उपस्थित रावचे. तशेंच इत्सूक आनी पात्र उमेदवारांनी आपलो अर्ज डॉ. मिलिंद एम. नाईक, (मुखेल संशोधक) सुक्ष्मजीवशास्त्र, गोंय विद्यापीठ, ताळगांव पठार, गोंय 403206 ह्या नाम्याचेर धाडचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/121

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.